**राष्ट्रीय खेळां पुरस्कारांखातीर अर्ज**

ता. 22 सप्टेंबर  2022

केंद्रीय गृह वेव्हार मंत्रालयावतीन खेळां मळावयल्या नामनेच्या व्यक्तिंक साबार पुरस्कांर भेटोवपात येता. मेजर ध्यानचंद खेलरत्न पुरस्कार, अर्जुन पुरस्कार, द्रोणाचार्य पुरस्कार, ध्यानचंद पुरस्कार, राष्ट्रीय खेल प्रोत्साहन पुरस्कार, मौलाना अब्दुल कलाम आझाद  पुरस्कार अशें पुरस्कार दितात.

केंद्रीय युवा  वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयाची मान्यताय आशिल्ल्या आनी 1 एप्रिल 2021 ते 31 मार्च 2022 मेरनच्या काळांत जाल्ल्या राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यावयल्या सर्तींनी उत्कृश्ट कामगिरी केल्ल्या आनी संबंदीत खेळां महासंघांनी धाडिल्ल्या पात्र खेळगडे, प्रशिक्षक आनी व्यक्तिंनी पुरस्काराखातीर आपले अर्ज ता. 21 ते 27 सप्टेंबर 2022 मजगती मंत्रालयाच्या dbtyas-sports.gov.in. ह्या पोर्टलाचेर धाडचे, अशें गोंय सरकाराच्या खेळां आनी युवा वेव्हार खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/564

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji